# कोंकणी परिभाशीक शब्दकोश तयार करपा खातीर कबलात

ता. 15 ऑक्टोबर 2024

कोंकणी परिभाशीक शब्दकोश तयार करपा खातीर गोंय सरकाराच्या राजभास संचालनालयान आयज पर्वरे मंत्रालयात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत केंद्रीय शिक्षण मंत्रालयाच्या विज्ञानिक आनी तांत्रिक शब्दावली आयोगा कडेन समजीकाय कबलात केली.

ह्या वेळार राजभाशा संचालक श्री प्रशांत पी. शिरोडकर, उपसंचालक श्री अनिल एच सावंत, सीएसटीटीचे अध्यक्ष, प्रो. गिरीश नाथ झा, सीएसटीटीचे सहाय्यक संचालक मर्सी हमर, डॉ. अशोक सेलवटकर आनी श्री शालंद्र सिंग तशेंच राजभाशा संचालनालयाचे अधिकारी, श्री सेबी फर्नांडिस, स्नेहा एस सबनीस, श्री महाजय एस. गाड आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान वैज्ञानिक आनी तांत्रिक शब्दावली आयोगा कडेन केल्ल्या समजीकाय कबलातीक लागून गोंयच्या विद्यार्थ्यांक कोंकणी भाशेंत वैज्ञानिक उतरांची शब्दावली उपलब्ध जातली आनी तांकां वैज्ञानिक विशय बरे तरेन समजपाक मजत जातली, अशें सांगलें. तशेंच ह्या कोंकणी परिभाशीक शब्दकोशाचो फायदो शाळांनी आनी उच्च शिक्षणाच्या मळार राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या अंमलबाजावणी खातीर जातलो आनी कोंकणी भाशेंचोय विकास जावपाक मजत जातली, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

सीएसटीटीचे अध्यक्ष, प्रो. गिरीश नाथ झा हांणी भारतीय भाशांनी तांत्रिक शब्दावली तयार करपाच्या सीएसटीटीचे कार्य आनी अणभवाची म्हायती दिली. गोंयांत ग्रंथ अकादमी स्थापन जावची अशी अपेक्षा तांणी व्यक्त केली. CSTT न्हय फकत कोंकणी शब्दकोश करतलो , जाल्यार विद्यार्थ्यां खातीर उपयुक्त सामग्रीय तयार करपाक मजत करतलो, अशें सांगलें.

CSTT क भारतीय भाशांनी नाणें, तांत्रिक शब्दावली तयार करपाचो अधिकार आसा. राजभास संचालनालया वांगडा केल्ल्या ह्या समजीकाय कबलातीक लागून कोंकणी भाशेंत तांत्रिक शब्दावली तयार करपाक , नाणें तयार करपाक मजत जातली. तशेंच प्रादेशिक भाशेत पाठ्यपुस्तकां तयार करपाक आनी भाशांतर आनी संशोधनाच्या कामाकय उपयुक्त थारतली.

ही समजीकाय कबलात करपाक शिक्षण सचीव श्री प्रसाद लोलयेकर हांची महत्त्वाची भूमिका आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/577

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.